# कुंकळ्ळीच्या बंडातल्यान युवकांक सदाच प्रेरणा मेळटली- श्री. फळदेसाय

ता. 15 जुलय 2024

15 जुलय 1583 दिसा कुंकळ्ळी हांगा 16 फुडाऱ्यांनी एकटाय येवन पोर्तुगीज सत्तेआड केल्ल्या बंडाच्या इतिहासातल्यान गोंयच्या तरणाट्यांक गोंय हे भरभराटीचे आनी आत्मनिर्भर राज्य करपाक परिश्रम करपाची सदाच प्रेरणा मेळटली आनी येणाऱ्या काळांत विकसीत भारताचे उद्दीश्ट पुर्ण जावपाक मजत जातली, अशें समाज कल्यण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय हांणी आयज कुंकळ्ळी बंडाच्या नायकांच्या स्मारकाक फुलाहार अर्पण करून कुंकळ्ळी बंडाच्या नायकांक श्रद्धांजली ओपल्या उपरांत उलयतना सांगलें.

पोर्तुगीज सत्तेआड 16 फुडाऱ्यांनी केल्ल्या कुंकळ्ळीच्या बंडाक गोंय मुक्ती चळवळीच्या इतिहासात व्हड म्हत्व आसा. परकीय राजवटीआड जाल्लो देशांतलो हो पयलो बंड आसा. कुंकळ्ळी बंडाचो इतिहास 9वी आनी 11वी च्या पाठ्यपुस्तकांत आस्पाव केल्ले खातीर तांणी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे अभिनंदन केले. तशेंच तांणी राष्ट्रीय पांवड्यार नवी दिल्लीत राष्ट्रीय स्मारकाचेर नायक हुतात्मा दीस पाळपाक सुरूवात केल्ले खातीर सरकारची तोखणाय केली.

देशाच्या लोकसंख्येत 65 टक्के युवा शक्तिचो आस्पाव आसा आनी देशाच्या विकासा खातीर ह्या युवा शक्तिचो योग्य उपेग करपाची गरज आसा. तशेंच युवकांनी ड्रग्स सारख्या वायट व्यसना पासून स्वता पयस रावपा वांगडाच अशा वायट प्रवृत्तीआड लडो दिवपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार निवृत्त न्यायाधिश श्री. एडगर फर्नांडिस हांचो समाज सेवेतल्या योगदाना खातीर कुंकळ्ळी भुषण, श्री. तुळशीदास देसाय हांचो शिक्षण क्षेत्रातल्या योगदाना खातीर कुंकळ्ळी श्री, श्रीमती देलीया परेरा हांचो बँक सेवेतल्या योगदाना खातीर कुंकळ्ळी ज्योती, श्री. रमेश राऊत नाईक हांचो पत्रकारीता क्षेत्रातल्या योगदाना खातीर कुंकळ्ळी मित्र पुरस्कार भेटोवन सत्कार केलो.

दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी श्री. अश्विन चंद्रु, पुलीस अधिक्षक श्रीमती सुनिता सावंत, कुंकळ्ळी चिफटेन्स मेमोरियल ट्रस्टाचे अध्यक्ष श्री. ऑस्कर मार्टिन, गोवा दमण दीव स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे अध्यक्ष श्री. रोहिदास देसाय आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/312

--

-----------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.